

## सी. ई. एस्. कला आनी वाणिज्य म्हाविद्यालय,

## कुंकळ्ळी, साश्ट- गोंय

# ‘दर्पण’

## वृत्तपत्र

शिक्षणीक वर्स 2021-22

फेब्रुवारी आनी मार्च 2022

खंड 1, अंक 3

सहयोगी प्रा. चतुरा साकोर्डेकार

(समन्वयक- वृत्तपत्र)

डॉ. संजय सावंत देसाय

(प्राचार्य)

सहाय्यक प्रा. अश्विनी च्यारी

(संपादक, कोंकणी विभाग)

*संपादकाचें उमाळें...*

*मोगाळ वाचप्यांनो,*

*सी. ई. एस्. म्हाविद्यालयाचें ई- वृत्तपत्र (म्हयनाळें) 'दर्पण' ह्या वृत्तपत्राच्या पयल्या खंडांतलो तिसरो अंक तुमचे मुखार दवरतना खूब खोस भोगता. ह्या अंकांत फेब्रुवारी आनी मार्च 2022 ह्या दोन म्हयन्यांत म्हाविद्यालयान घडोवन हाडिल्ल्या वेगवेगळ्या कार्यावळीविशीं तुमकां वाचपाक मेळटलें. शिक्षणा बरोबरूच विद्यार्थ्यांच्या हेर कौशल्ल्यांक वाव मेळपाक संद उपलब्द करून दिवप होच एक उद्देश.*

*म्हाविद्यालयाचें दोन म्हयने ह्या अंकांत टिपिल्लें आसात. ह्या अंकांत प्राचार्यांचो तेंको, शिक्षकांचे मार्गदर्शन, विद्यार्थ्यांचें परिश्रम आनी हेर कर्मचारी वर्गाचें श्रम पडबिंबीत जाल्लें पळोवंक मेळटलें.*

*तुमच्या मोलादीक प्रतिक्रियेची आमी वाट पळयतात...*

*सहाय्यक प्रा. अश्विनी च्यारी*

*(संपादक, कोंकणी विभाग)*

**ashvinichari@cescollege.ac.in**

**newsletter@cescollege.ac.in**

## 15 फेब्रुवारी, 2022

### *समाजसेवा: मोरपिर्ला गांवाक भेट*

म्हाविद्यालयाच्या शिक्षकांनी आजादी का अमृत महोत्सवांतर्गत समाजसेवेचो एक वांटो म्हूण मोरपिर्ला गांवाक भेट दिली आनी कोरोना साथीच्या काळांत आयिल्ल्या अडचणीविशीं गांवांतल्या लोकांकडेन संवाद सादलो. ग्रामस्थांच्यो अडचणी समजून घेतल्यो आनी ताचेर मात करपाक लागून उपाय सुचयलें. उपरांत प्राध्यापकांनी कोवीड 19 विरुध्द प्रतिबंधात्मक उपायांविशीं जागरुताय निर्माण करपाखातीर मास्कां वांटली.







ग्रामपंचायत, मोरपिर्ला हांगा शिक्षक वर्ग

शिक्षकांकडल्यान मास्कांचे वांटप

## 19 फेब्रुवारी, 2022

### *शिवजयंती सुवाळो*




कुंकळ्ळी शिक्षण संस्थेचे अध्यक्ष विरेंद्र (विदेश) देसाय आनी सी. ई. एस्. म्हाविद्यालयाचें प्राचार्य डॉ. संजय सावंत देसाय हांच्या हातांत छत्रपती शिवाजी महाराज हांच्या प्रतिमेक फुलांचो हार अर्पण करून इतिहास विभागाच्या वतीन म्हाविद्यालयाच्या ऑडियो- व्हिज्युअल हॉलांत ‘शिवजयंती’ साजरी केली.

कुंकळ्ळी शिक्षण संस्थेचें अध्यक्ष आनी म्हाविद्यालयाचें प्राचार्च छत्रपती शिवाजींच्या प्रतिमेक फुलां ओंपतना

### 20 फेब्रुवारी, 2022

***निबंद लेखन सर्त- 'गिरायकांनो- तुमचें हक्क जाणून घेयात'***

म्हाविद्यालयाच्या गिरायक कल्याण कक्षान नागरी पुरवठो आनी गिरायक वेव्हार विभाग (DCSCA) हांच्या संयुक्त विद्यमानान गिरायक जागरुताय कार्यावळीचो एक भाग म्हणून 'गिरायकांनो- तुमचें हक्क जाणून घेयात' ह्या विशयाचेर निबंद लेखन सर्त आयोजीत केल्ली. तन्मयी नाईक (S.Y. B.Com.), सबिता स्वेन (T.Y.B.Com.) आनी रेखा ओली (T.Y.B.Com.) हांणी बरयिल्लें उत्कृश्ट तीन निबंद नागरी पुरवठो आनी गिरायक वेव्हार विभागाक (DCSCA) धाडल्यात.

### 27 फेब्रुवारी, 2022

***मराठी भाशा गौरव दीस***

मराठी भाशा दिसानिमतान म्हणजेच 'मराठी भाशा गौरव दिसा' निमतान मराठी विभागान 'मराठी साहित्याच्या गावी' ह्या ऑनलायन उपक्रमाचें आयोजन केल्लें, जातूंत मराठी भाशा गौरव दीस आनी कवी कुसुमाग्रज हांची म्हायती पयलें वर्स कला आनी दुसरें वर्स कला हांच्या व्हॉट्सॲप ग्रुपार प्रसारीत करपांत आयली आनी विद्यार्थ्यांक वाचनाची सवंय लागची म्हूण तांका ई- पुस्तकां, मराठी साहित्याक संबंदीत व्हिडियो आनी हेर संसाधनां अशे तरेन वेगवेगळे ई- साहित्य उपलब्ध करून दिलें.

### 28 फेब्रुवारी, 2022

***ऑनलायन प्रस्नमाची: विज्ञान दीस***

नोबेल पुरस्कार जैतीवंत आनी शास्त्रज्ञ सी. व्ही. रामन हांच्या यादीन आनी 1928 आंत ह्या दिसा तांणी इतिहास रामन प्रभावाचो सोद लायल्लो, ते खातीर सी. ई. एस्. म्हाविद्यालयाच्या गणित आनी माहिती तंत्रगिन्यान विभागान विद्यार्थ्यांक विज्ञानाविशीं सामान्य गिन्यान दिवपाखातीर म्हाविद्यालयान ऑनलायन प्रस्नमाची सर्त आयोजीत केल्ली.

### 5 मार्च, 2022

***अतिथी व्याख्यान: मराठी भाशेंत करियर संदी***

मराठी विभागा वतीन 'भाषिक कौशल्ये आणि रोजगाराच्या संधी' (मराठी भाशेंतल्यो करियराच्यो संधी) ह्या विशयाचेर व्याख्यान आयोजीत केल्लें. गोंय विद्यापिठांतलें सहाय्यक प्रा. चिन्मय मधू घैसास हें ह्या व्याख्यानाक उलोवपी म्हूण हाजीर आशिल्लें. हें व्याख्यान विद्यार्थ्यांक मराठी साहित्यांतल्या करियराच्या संद्यांची जाणीव करून दिवपाच्या हेतान आयोजीत केल्लें.

## 6 मार्च, 2022

### *फुकट दोळें तपासणी शिबीर*

आजादी का अमृत महोत्सवाचो एक भाग म्हूण, सी. ई. एस्. कला आनी वाणिज्य म्हाविद्यालय हांणी कोहिनूर ऑप्टिशियंस, मडगांव हांच्या जोडपालवान आयोजीन 'फुकट दोळें तपासणी शिबीर' आयतारा ग्रामपंचायत हॉल, मोरपिर्ला, केपें- गोंय हांगा केल्लें. ह्या शिबिराचो लाव मोरपिर्ला आनी कुंकळ्ळी वाठारांतल्या वट्ट 85 जाणांनी घेतलो. 6 जाणांचें मोतीबिंदूचें निदान जालें जाल्यार 76 जाणांक फुकट चश्मा दिलें.



दोळें तपासणी शिबिरांत सी. ई. एस्. कर्मचारी वर्ग




श्री. आदेश कारवारकार जमिल्ल्या गांवकाऱ्यांक संबोधतना

## 8 मार्च, 2022:

### ♠ *महिला दीस सुवाळो*

महिला दिसाचें निमित्त सादून विद्यार्थी मंडळ आनी जेंडर चॅम्पियन अँड वुमन्स सॅल हांणी महाविद्यालयाच्या सभाघरांत कार्यावळीचें आयोजन केल्लें. सहाय्यक प्रा. सोकोरिना फर्नांडीस हांणी '*टायमलायन:वुमन्स फुटप्रिंट इन हिस्ट्री'* ह्या विशयाचेर थोडे भितर सादरीकरण केलें. त्या दिसा एका सांस्कृतीक कार्यावळीचें आयोजन केल्लें. जातूंत फॅशन शोच्या रुपांत नामांकीत महिला व्यक्तींच्या योगदानाचें चित्रण केलें. विद्यार्थिंनी प्रेरणादायी भारतीय महिला पात्रांची वेशभुशा करून रॅम्प चलली. म्हाविद्यालयांतल्या महिला कर्मचाऱ्यांक फुलांचें रोपें दिलें.



महिला दिसाच्या सुवाळ्या सी. ई. एस्. म्हाविद्यालयांतल्यो शिक्षिका आनी शिक्षकेत्तर महिला कर्मचारी



फॅशन शोच्या रॅम्पार भारतांतल्या फामाद अस्तुऱ्यांक दर्शोवपी विद्यार्थी

### ♠ *महिला सशक्तीकरण सप्तक*




एन्. एस्. एस्. विभागा वतीन महिला सक्षमीकरण आनी लैंगिक समानता ह्या विशयाचेर जनजागृती मिरवणूक

म्हाविद्यालयाच्या एन्. एस्. एस्. युनीटान 8 ते 14 मार्च ह्या दिसांनी 'महिला सक्षमीकरण सप्तक' आयोजीत केल्लो. जातूंत 'महिला सक्षमीकरण' ह्या विशयाचेर वेगवेगळ्या सर्तींचें आयोजन केल्लें. महिला सक्षमीकरण ह्या विशयाचेर मिरवणूक, *'माय रोल मॉडल'* ह्या विशयाचेर निबंद, कोलाज मेकींग सर्त, घोशवाक्य लेखन आनी महिला सक्षमीकरण ह्या विशयाचेर कविता सर्तींचें आयोजन केल्लें.

**9 मार्च, 2022:**

### *पोस्टर सर्त*



सर्ती खातीर पोस्टक तयार करपाच्या प्रक्रियेंत विद्यार्थी

'आंतरराष्ट्रीय महिला दिना'चें निमित्त सादून राज्यशास्त्र विभागान 'पोस्टर मेकींग सर्त' आयोजीत केल्ली. सर्ती खातीर विशय 'लैगींक समानता आनी महिला सक्षमीकरण'क प्रोत्साहन दिलें. सर्तींत 8 विद्यार्थ्यांनी वांटो घेतिल्लो. पयलें इनाम मधू गुप्ता (तिसरें वर्स, कला), दुसरें इनाम सोनम शर्मा (दुसरें वर्स, कला) आनी तिसरें इनाम दुर्गेश्वरी शिंदे (दुसरें वर्स, कला) हांका फाव जालें.

**10 मार्च,2022**

### *व्याख्यान:'मानवी शरिरांतलें धातू'*



डॉ. प्रज्योती देसाय हांका विद्यार्थी अलोशा फर्नांडीस येवकारतना

विज्ञान व्याख्यानमाळेचो एक भाग म्हणून सी. ई.एस्. कला आनी वाणिज्य म्हाविद्यालय हांणी उच्च शिक्षण संचालनालय (DHE) हांच्या जोडपालवान डॉ. प्रज्योती गांवस देसाय हांचे 'मानवी शरिरांतलें धातू' ह्या विशयाचेर विद्यार्थ्यां खातीर विज्ञान व्याख्यान आयोजीत केल्लें.

**12 मार्च, 2022**

### *व्याख्यान: कर्करोग प्रतिबंध आनी निरोगी जीवनशैली*



व्याख्यान दिवप्यां बरोबर शिक्षक आनी विद्यार्थी

म्हाविद्यालयान संजीवनी ह्या बिगर सरकारी संस्थेच्या सहकार्यान आमच्या विद्यार्थी आनी शिक्षकांखातीर 'कर्करोग प्रतिबंध आनी आरोग्यदायी जीवनशैली' ह्या विशयाचेर जनजागृती सत्र आयोजीत केल्लें. निशाद शेख आनी डिंपल राजू हांका उलोवपा खातीर आमंत्रीत केल्ली.

**16 मार्च, 2022**

### *व्याख्यान: एव्हिएशन आनी हॉस्पिटॅलिटी इंडस्ट्रीजचेर करियर मार्गदर्शन*



श्री. अनंत शिवराज सत्रांत विद्यार्थ्यांक संबोदतना

वाणिज्य विभागाच्या सहकार्यान करियर आनी प्लेसमँट सॅलान तिसऱ्या वर्साच्या विद्यार्थ्यां खातीर '**व्याख्यान: एव्हिएशन आनी हॉस्पिटॅलिटी इंडस्ट्रीजचेर करियर मार्गदर्शन**' ह्या विशयाचेर सत्राचें आयोजन केल्लें. एव्हिएशन आनी हॉस्पिटॅलिटी उद्देगांतल्या करियर संदीविशीं वाणिज्य शाखेच्या विद्यार्थ्यांमदीं जागरुताय निर्माण करपा खातीर ग्रिफॉन अकादमीचें श्री. अनंत शिवराज हें उलोवपी म्हूण हाजीर आशिल्लें.

**21 मार्च, 2021**

♠ ***कविता लेखन सर्त***


'संवसारीक कविता दिसा' निमतान हिंदी विभागावतीन कविता वाचन सर्त आयोजीत केल्ली. ह्या सर्तींत 16 विद्यार्थ्यांनी वांटो घेतिल्लो.



♠ ***कविता वाचन सत्र***

संवसारीक कविता दिसा निमतान इंग्लीश विभागान भौभाशीक कविता वाचन सत्राचें आयोजन केल्लें. ह्या सत्रांत सुमार 29 विद्यार्थ्यांनी वांटो घेतलो. ह्या सर्ती खातीर 'शांतता' ह्या विशयाचेर आदारीत विद्यार्थ्यांनी आपल्या आवडीच्या भाशेंत कविता सादर केली.

### ♠ *व्यक्तिमत्व विकासाचेर पांच दिसाची कार्यशाळा*



THE CUNCOLIM EDUCATIONAL SOCIETY'S
COLLEGE OF ARTS AND COMMERCE
Cuncolim- Salcete Goa

Student's Council
Organizing
Five Day Personality Development Workshop (21st to 28th March 2022)

| Date | Topic | Resource person |
| --- | --- | --- |
| 21st March, 2022 2.00 to 4.00 pm | Motivation and Positive thinking | Mr.Pravin Sabnis (Corporate Trainer) |
| 23rd March, 2022 2.00 to 4.00 pm | Personal Grooming and Self-awareness | Mr. Ragunath Sancordekar (Ex-Bank Manager BOI & Stage Actor) |
| 24th March, 2022 2.00 to 4.00 pm | Development of Personal Traits | Mr. Tilroy Fernandes (Ex- Principal of C.U.H.S.S. & Career Counsellor) |
| 25th March, 2022 2.00 to 4.00 pm | Etiquette and Communication Skills | Dr. Jorson Fernandes (ENT, Surgeon & Corporate Trainer) |
| 28th March, 2022 2.00 to 4.00 pm | Presentation Skills and Self Introduction | Mr. Avin Naik (Soft Skill Trainer) |

Dr. Suraj M. Popker (Convenor, Students' Council) · Mrs. Tina De Santa Tereza (Coordinator) · Mrs.Ashvini Chari (Co-coordinator) · Dr. Sanjay Sawant Dessai (Principal)

म्हाविद्यालयाच्या विद्यार्थी मंडळान 21,23,24,25 आनी 28 मार्च ह्या दिसांनी विद्यार्थ्यांची सोफ्ट स्किल्स आनी व्यक्तिमत्व वाडोवपाच्या उद्देशान व्यक्तिमत्व विकास ह्या विशयाचेर पांच दिसांची कार्यशाळा आयोजीत केल्ली. उलोवपी म्हूण वेगवेगळ्या क्षेत्रांतल्या पांच वक्त्यांक आमंत्रीत केल्लें. पयलें सत्र श्री. प्रविण सबनीस (कोर्पोरेट ट्रॅनर) हांणी *'प्रेरणा आनी सकारात्मक विचार'* ह्या विशयाचेर, दुसरें सत्र श्री. रघुनाथ साकोर्डेकार (माजी बँक वेवस्थापक, बँक ऑफ इंडिया आनी रंगमंच अभिनेतो), *'पर्सनल ग्रुमींग अँड सॅल्फ अवॅरनस'*, तिसरें सत्र श्री. टिलरॉय फर्नांडीस (माजी प्राचार्य, कुंकळ्ळी उच्च माध्यमीक विद्यालय) हांणी *'वैयक्तीक वैशिश्टांचो विकास'* ह्या विशयाचेर, चौथे सत्र डॉ. जोर्सन फर्नांडीस (ई.एन्. टी. सर्जन) हांणी *'शिश्टाचार आनी संवाद कौशल्ल्या'* ह्या विशयाचेर आनी निमणें श्री. अवीन नाईक (सॉफ्ट ट्रॅनर) *'प्रेजेंटेशन स्किल्स अँड सॅल्फ इंट्रोडक्शन'* ह्या विशयाचेर मार्गदर्शन केलें. ह्या कार्यशाळेक 60 विद्यार्थ्यांनी वांटो घेतिल्लो.

## 26 मार्च, 2021

♠ समाज सेवा संघटनेचें 'आराधना' वाचपघर आनी गोवा मराठी अकादमी हांच्या जोडपालवान सरकारी हायस्कूल, मलकर्णे, सांगे हांगा एका दिसाची कार्यशाळा आयोजीत केल्ली. म्हाविद्यालयाच्या मराठी विभागांतल्यो सहाय्यक प्रा. शुभलक्ष्मी नाईक गांवकर हिका उलोवपी म्हूण आमंत्रीत केल्लें.



### ♠ *वर्सुकी क्रिडा दीस*

शारिरीक शिक्षण आनी क्रिडा विभागान वर्सुकी क्रिडा दिसाचें आयोजन कुंकळ्ळीच्या फुटबॉल मैदानार केल्लें. चलें आनी चलयां खातीर वेगवेगळ्यो सर्ती आयजीत केल्ल्यो. *100 मी., 200 मी., 400 मी., रिले* तशेंच *जॅवलीन थ्रो, डिसकस थ्रो, शॉर्ट पूट आनी लाँग जंप. मार्च पास्ट* आनी दोरी ओड सारकिल्या विशेश खेळांचें आयोजन केल्लें



वर्सुकी क्रिडा दिसाची झलक

**30 मार्च, 2022**

### *व्याख्यान: करियर मार्गदर्शन*



सायली तेंडोलकार सत्रांत विद्यार्थ्यांक संबोधतना

करियर आनी प्लेसमँट सॅल आनी वाणिज्य विभाग हांणी जोडपालवान तिसऱ्या वर्साच्या विद्यार्थ्यां खातीर ‘करियर मार्गदर्शन’ ह्या विशयाचेर उलोवप आयोजीत केल्लें. 30 मार्च 2022 ह्या दिसा नुवेंच्या कार्मेल म्हाविद्यालयांतल्या सहाय्यक प्रा. सायली तेंडोलकार हांणी बी. कॉम. च्या विद्यार्थ्यां मदीं वाणिज्य पदवी मेळयल्या उपरांत करियराच्या संदीविशीं जागरुताय निर्माण केली.

**30 मार्च, 2022**

***रक्तदान शिबीर***

आजादी का अमृत महोत्सवानिमित्त्यान, समाजसेवेचो एक भाग म्हूण म्हाविद्यालयांतल्या एन्. एस्. एस्. विभागान गोंय वैजकी म्हाविद्यालय, बांबोळे- गोंय हांच्या जोडपालवान म्हाविद्यालयांतल्या सभाघरांत रक्तदान शिबीर आयोजीत केल्लें. सी. ई. एस्. म्हाविद्यालयाचें प्राचार्य, विद्यार्थी तशेंच कर्मचारी, माजी विद्यार्थी आनी थळावें लोक रक्तदाना खातीर मुखार आयलें. वट्ट 85 स्वयंसेवकां मदीं 50 स्वयंसेवक रक्तदाना खातीर पात्र थारलें आनी 50 युनीट रक्तदान केलें.





रक्तदान शिबिरांत रक्तदाते

**31 मार्च, 2022**

*आंतरवर्गीय निबंद लेखन सर्त*

कोंकणी विभागा वतीन *'पुस्तक आमचो इश्ट', 'संपर्क माध्यमां वाचनाचेर परिणाम करता व्हय?'*, आनी *'म्हाका आवडिल्लें पुस्तक'* ह्या विशयाचेर आंतरवर्गीय निबंद लेखन सर्तीचें आयोजन केल्लें. जातूंत 11 विद्यार्थ्यांनी वांटो घेतल्लो.

**31 मार्च, 2022**

***आंतर म्हाविद्यालयीन कार्यावळ: 'पोलिटोरिया'***

राज्यशास्त्र आनी इतिहास विभागा वतीन 'पोलिटोरिया' ही आंतर म्हाविद्यालयीन कार्यावळ आयोजीत केल्ली. ह्या सर्तींत राज्यांतल्या 9 म्हाविद्यालयांनी वांटो घेतिल्लो. 4 माचयेर आनी 3 ऑफस्टेज सर्तींचो आस्पाव आशिल्लो. पी. ई. एस्. म्हाविद्यालय, फोंडेचो पंगड जैतीवंत थारलो जाल्यार उप- जैतीवंत सरकारी म्हाविद्यालय, केपें आनी कर्मेल म्हाविद्यालय, नुवें ह्या म्हाविद्यालयांतल्या पंगडान तिसरें इनाम मेळयलें.



प्राचार्य, शिक्षक, विद्यार्थी आनी जैतीवंता बरोबर 'पोलिटोरिया'चें जैतीवंत

♦ ♦ ♦ ♦ ♦